# 144 कलम अनिश्चीत काळाखातीर लागू

ता.19 मार्च 2018
28 फाल्गुन 1939

उत्तर गोंय जिल्होन्यायदंडाधिका-यान 144 कलम 19 मार्च 2018 सावन अनिश्चित काळाखातीर वाडयला.

उत्तर गोंय जिल्होन्यायदंडाधिका-यान अखिल गोंय ट्रक धनी/ड्रायव्हर संघटना, खण अवलंबीत, बार्ज मालक, खण यंत्र मालकांच्या मोर्चाक लागून काल आदेश जारी केल्लो.

मांडवी पुलाच्या दोनीय वटेन, पणजी कदंब बस स्थानकासरभोवतणचो वाठार, पणजी महापालिका वाठार आनी पेन्ह-द-फ्रान्स आनी मेरशी ग्राम पंचायत वाठारात पाच वा चड व्यक्ती एकटाय जमपाक, मिरवणूको काडपाक, खंयचोय रस्तो आडोवन लोकांक आनी येरदारीक आडखळ हाडपाक, लाऊडस्पीकर वापरपाक, घोशणा दिवपाक आनी पेट्रोल पंप आनी सभेच्या जागेर माराण पेटोवपाक निर्बंध आसा.

हो आदेश कामावयले लोकसेवक आनी जिल्हो न्याय दंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्याय दंडाधिकारी, उपविभागीय न्यायदंडाधिका-याकडल्यान लेखी परवानगी घेतलेल्या लग्न सुवाळो वा अंतयात्रा वा खंयच्याय खास कारणाखातीर लागू आसचो ना.